## राज्य युवा पुरस्कारां खातीर अर्ज

ता. 31 ऑगस्ट 2021

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2020-21 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान ऑनलायन अर्ज मागयल्यात.

वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज नमुनो, नेम आनी पात्रतायेच्यो अटी खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.inह्या व्हेबसायटीचेर अपलोड केल्ल्यो आसात. इत्सूक युवकांनी ते डावनलोड करून घेवपाक जाता.

पात्र युवक, आपवावूरपी संस्थां आनी हेरांनी पुराय भरिल्ले अर्ज केल्ल्या सेवेचे प्रमाणपत्र आनी दाखल्या सयत ता. 30 सप्टेंबर 2021 मेरेन dir-spor.goa@nic.in. ह्या ई-मेलाचेर धाडचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/737

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji